०८.०८.२०२५

सकाळी ८.४० वरां

- आकाशवाणी पणजी केंद्र, प्रादेशिक खबरा विभाग - राष्ट्रीय खबरो
- मुखेल खबरो
- काल प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांकां ब्राझीलाचे राष्ट्राध्यक्ष लुईझ इनासिओ लुला दा सिल्वा हांचो फोन आयलो.
- राश्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार अजीत डोवाल हांणी काल मॉस्कोच्या क्रेमलीनांत रशियेचे राष्ट्राध्यक्ष व्लादिमीर पुतीन हांची भेट घेतली.
- भारत आपल्या शेतकार नुस्तेमार आणि दुद उत्पादक शेतकऱ्यांच्या हिताकडे केन्नाच तडजोड करचो ना अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हणला.
- राहूल गांधी हाणी देशांतल्या नागरिकांची दिशाभूल करप बंद करचें अशे वेंचणूक आयोगान मागला.
- जानेवारी ते एप्रिल २०२५ मेरेन भारतात वैजकी हेतान १.३१ लाखांपरस चड FTA म्हळ्यार विदेशी पर्यटकांचे आगमन जाले.
- बँकॉकांत सुरू आशिल्ल्या 19 वर्सां सकयल्या आशियाई मुष्टियुध्द सर्तीत भारताची पदकांची संख्या 12 जाल्या

- काल प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांकां ब्राझीलाचे राष्ट्राध्यक्ष लुईझ इनासिओ लुला दा सिल्वा हांचो फोन आयलो. टेलिफोनीक संवादांत दोनूय फुडाऱ्यांनी वेपार, तंत्रगिन्यान, उर्जा, संरक्षण, शेती, भलायकी आनी लोकां मदल्या संपर्कांत सहकार्य वाडोवपाविशी भासाभास केली अशे प्रधानमंत्री कार्यालयान निवेदनांत म्हणलां. तशेंच परस्पर हितसंबंद आशिल्ल्या प्रादेशिक आनी संवसारीक प्रस्नांचेर विचारांचे दिवप घेवप केले. प्रधानमंत्री मोदी हाणी फाटल्या म्हयन्यांत ब्राझीलाक केल्ले भेटीचो उगडास केलो. भारत-ब्राझील रणनितीक भागीदारी नव्या उंचायेर व्हरपाची बांदीलकाय दोनूय फुडाऱ्यांनी परतून सांगल्या अशें प्रधानमंत्री कार्यालयान म्हळा.
- राश्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार अजीत डोवाल हांणी काल मॉस्कोच्या क्रेमलीनांत रशियेचे राष्ट्राध्यक्ष व्लादिमीर पुतीन हांची भेट घेतली. हाचे आदीं श्री डोवाल हांणी रशियन सुरक्षा मंडळाचे सचीव सर्गेई शोइगु हांचे कडेन उलोवणी केल्ली. भारताचे रशिये कडेन खाशेले आनी बऱ्याच काळासावन संबंद आसात आनी हे म्हत्वाचे आसात अशे ह्या संदर्भार उलयतना राश्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार डोवाल हाणी सांगलें. रशियेचे राष्ट्राध्यक्ष व्लादिमीर पुतीन बेगीन भारताक भेट दितले आनी तारखो थारत आयल्यात अशें तांणी सांगलें.
- भारत आपल्या शेतकार नुस्तेमार आणि दुद उत्पादक शेतकऱ्यांच्या हिताकडे केन्नाच तडजोड करचो ना अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हणला. काल नवी दिल्लीत एम.एस. स्वामीनाथन शताब्दी आंतरराष्ट्रीय परिषदेत उलयताना मोदी हाणी शेतकऱ्यांचे कल्याण हे त्यांच्या सरकाराचे सर्वोच्च प्राधान्य आसा हाचेर भर दिलो. सरकार शेतकऱ्यांचे उत्पन्न वाडोवपाक आणि शेतावेलो खर्च उणो करपाक सेगीत काम करता अशे सांगुन सरकारान शेतकऱ्यांची ताकद देशाच्या प्रगतीची बुन्याद  म्हण वळखल्या हे ताणी अधोरेखित केले. डॉ. स्वामीनाथन हाणी भारताक अन्न उत्पादनात स्वयंपूर्ण करपाच्या चळवळीचे फुडारपण केले अशे तांणी सांगले. आयज भारत दुद, दाळ आनी जूट हांचो संवसारांतलो सगळ्यांत

व्हडलो उत्पादक देश आसा. हवामानाक अनुकूल पिकांच्यो चडांत चड जाती तयार करपाची आनी उश्णताय सोंसपी पिकांचेर लक्ष केंद्रीत करपाची गरज प्रधानमंत्री मोदी हाणी ह्या उलोवपांत उक्तायली.

- लोकसभेंत वेंचणूक नोंदींत घुस्पागोंदळ केलो असो आरोप विरोधी पक्ष फुडारी राहुल गांधी हाणी केलो ताचेविशी वेंचणूक आयोगान खंडन केला. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या तथ्य तपासणेंत वेंचणूक आयोगान ह्या आरोपांक चुकीचे अशें म्हणलां आनी श्री गांधीक ते सांगता तें खरें दिसता जाल्यार वेंचणुकेच्या नेमा प्रमाण घोशणापत्राचेर/प्रतिज्ञापत्राचेर सय करची अशें सांगलां. विरोधक फुडाऱ्यांक आपूण सांगता तें पटना जाल्यार तथ्यहीन निश्कर्श काडप आनी देशांतल्या नागरिकांची दिशाभूल करप बंद करचें अशेंय आयोगान मागला. वेगवेगळ्या मुद्द्यांचेर विरोधी पक्षांच्या गोंधळाक लागुन लोकसभा काल दनपार १२ मेरेन आणि राज्यसभा दनपार २ मेरेन तहकूब केल्ली. सकाळी ११ क सभागृह सुरू जाले तेन्ना उपसभापती हरिवंश हाणी म्हणले की त्यांका वेगवेगळ्या मुद्द्यांकडे संबंधित विवेगवेगळ्या राजकीय पक्षांकडच्यान २५ तहकूब सूचना मेळल्या पुण त्यो सूचना रद्द केल्यात. Byte - हरिवंश
- जानेवारी ते एप्रिल २०२५ मेरेन भारतात वैजकी हेतान १.३१ लाखांपरस चड FTA म्हळ्यार विदेशी पर्यटकांचे आगमन जाले. हे प्रमाण सुमार ४.१% इतले आसा. कैंद्रीय पर्यटन आनी संस्कृती मंत्री गजेंद्र सिंह शेखावत हांणी राज्यसभेत लेखी जापेत ही माहिती दिली. फाटल्या पाच वर्सात, बांगलादेश वैजकी पर्यटकांखातीर अव्वल स्रोत देश म्हूण उदेंताक आयला.
- व्हिएतनाम कम्युनिस्ट पक्षाचे महासचिव टो लम हांणी हनोईत भारतीय राजदूत संदीप आर्य हांचे बरोबर बसका घेतली. ह्या वेळार भारता वांगडा केल्ल्या व्यापक रणनिती भागीदारीची तांणी तोखणाय केली. तशेच वेगवेगळ्या मळार दोनूय देशां मदल्या संबंदांची सकारात्मक उदरगतीचीय तांणी तोखणाय केली.
- सिक्किमांत कैलाश मानसरोवर यात्रेचो निमाणो गट काल रातीं गंगटोक पावलो. नाथूला पासांतल्यान ह्या वर्साच्या धाव्या आनी निमाण्या गटांत अधिका-यांसयत 50 लोक आसात. आयज गँगटोकांत आयटीबीपी कर्मचारी तांका मार्गदर्शन करतले.
- उत्तराखंडांतल्या उत्तरकाशी जिल्ह्यांतल्या आपत्तीक लागून जाल्ल्या धराली-हर्षिल वाठारांत लश्कर, वायुसेना, आयटीबीपी, एनडीआरएफ, एसडीआरएफ, पुलीस आनी जिल्लो प्रशासनावरवी मदत आनी बचाव मोहीम सुरू असा. हवामान निवळ जातकच आडखून पडील्ल्या लोकांची सोडवणूक नेटान जातली अशें सरकारान सांगला. आतां मेरेन हेलिकॉप्टरांच्या आदारान आपत्तीग्रस्त वाठारांतल्यान 372 जाणांक आयटीबीपी मटली कॅम्प आनी जॉली ग्रांट, देहरादून हेलीपॅडांत सुरक्षीतपणान व्हरून दवरल्यात. ह्या मोहिमेंत चिनूक आनी एमआय-17 साधनांचो उपेग करतात. हेलिकॉप्टरांतल्यान बाधित वाठारांनी आडखून उरिल्ल्या लोकांक आदार सामुग्री, पिवपाचें उदक, वखदां आनी अन्नधान्य पावोवपाचें काम सुरू आसा अशें जिल्लो दंडाधिकारी प्रशांत आर्य हांणी सांगलें. धरली आपत्तीक लागून ज्या लोकांची घरा आनी वेवसाय इबाडल्यात तांकां कोमुनिदादी रांदचीकूड वेवस्था सुरू आसा अशें तांणी सांगलें. राज्य आपत्ती वेवस्थापन प्राधिकरणाच्या म्हणण्या प्रमाण सैमीक आपत्तींत आतां मेरेन दोन मडीं मेळ्ळयांत, जाल्यार 09 लश्करी कर्मचाऱ्यां सयत सुमार 16 जाण बेपत्ता आसात.
- भारतीय हवामान खात्यान आयज अरुणाचल प्रदेशांत खूब व्हड पावस पडपाचो रेड अलर्ट जारी केल्या. सोमारा मेरेन अरुणाचल प्रदेशांत कांय सुवातानी पावस पडटलो अशें भारतीय हवामान खात्यान सांगलां.

तशेंच आयज तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल वांगडाच उत्तर उदेंतेच्या हेर वाठारानी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. आयज बिहार, झारखंड, ओडिशा, अस्तंत बंगाल आनी सिक्किमात वादळी वा-यासयत पडपाची व्हड  शक्यताय आसा अशें हवामान खात्यान सांगलां. तशेंच, मध्य महाराष्ट्र आनी मराठवाडा सोडल्यार देशांतल्या चडशा वाठारांनी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची खूब शक्यताय आसा अशें भारतीय हवामान खात्यान कळीत केला.

- बँकॉकांत सुरू आशिल्ल्या 19 वर्सां सकयल्या आशियाई मुष्टियुध्द सर्तींत भारताची पदकांची संख्या 12 जाल्या.काल पांच दादले मुष्टियुध्दपटू आपल्या वजनाच्या विभागांत प्रभावी जैत मेळोवन उपांत्य फेरयेंत प्रवेश केलो. निमाण्या चारांत पाविल्ल्या सात बायलां मुष्टियुध्दां वांगडाच 55 किलो वजनाच्या विभागांत शिवम, 65 किलो वजनाच्या विभागांत मौसम सुहाग, 75 किलो वजनाच्या विभागांत राहुल कुंडू, 85 किलो वजनाच्या विभागांत गौरव आनी 90 किलो वजनाच्या विभागांत हेमंत सांगवान हांणीय उत्कृश्ट कामगिरी करून उपांत्य फेरयेंत आपली सुवात मेळयली.